# कोऑप होरायझन

१ मार्च २०२३


## अर्थसंकल्प सहकारी संस्थां खातीर देणे : अमित शाह



केंद्रीय घर आनी सहकार मंत्री, अमित शाह हांणी म्हटलां की, 'सहकार से समृद्धी' चो मंत्र जपत, भारत सरकारान भोवमानेस्त पंतप्रधान श्री. नरेंद्र मोदी हांचे नेतृत्वाखाला, सहकारी संस्थांचया माध्यमांतल्यान भौसांतल्या कोट्यांची जीवनशैलीचो पावंडो उबारपाचो निश्चेव केला.

सहकार क्षेत्राक बळगें दिवपाखातीर अर्थसंकल्प 2023 त घेतिल्ले अभूतपूर्व निर्णय ह्या निश्चेवाचें प्रतीक आसात. संवसारांतली सगल्यांत व्हडली विकेंद्रीत संग्रहण क्षमताय स्थापीत करपाच्या येवजणीन, सहकारी संस्थांवांगडा संलग्न शेतकारांक, तांची उत्पादनां योग्य वेळार विकून, तांचेबदला रास्त मोल मेळप शक्य जातले आनी पंतप्रधान श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या, शेतकारांची येणावळ वाडोवपाच्या निश्चेवांत, हें एक म्हत्त्वाची भुमिका निभायतलें.

तशेंच, फुडल्या 5 वर्सांत सरकार प्रत्येक पंचायतीत नव्यो भोव-उद्देशीय सहकारी संस्था, प्राथमीक नुस्तें सोसायट्यो आनी दूद उत्पादन सहकारी सोसायट्यो स्थापीत करतले. वर्स 2016-17 मदीं शेतकारांक केल्ली फारीकणी तांच्या खर्चांत दाखोवपाची सुविधा साकर सहकारी संस्थांक दिल्ली आसा, ज्याका लागून साकर कारखान्यांक ₹10,000 कोट्यांची थाकाय मेळटली.

तशेंच, 31 मार्च, 2024 मेरेन स्थापीत जाल्ल्या उत्पादक क्षेत्राच्या सहकारी सोसायट्यांक 15% कराच्या जाळ्यांत दवरले खातीर, केंद्रीय सहकार मंत्री हांणी प्रधानमंत्र्यांकडेन कृतज्ञता उक्तायली. प्राथमीक कृशी क्रेडीट सोसायटी (पीएसीएस) आनी प्राथमीक सहकारी कृशी आनी ग्रामीण उदरगत बँक (पीसीएआरडीबी) हांचेखातीर, रोख विनिवर्तनावयली टीडीएस मर्यादा ₹3 कोट्यांचेर थांबोवपाचो आनी रोख जमा आनी रिणांखातीरची मर्यादा ₹2 लाख प्रति सदस्य करपाचो निर्णय तोखणाय करपासारको आसा.

स्रोत: पीआयबी

## राष्ट्रीय पावंड्यावयली भोवराज्यीय सहकार निर्यात सोसायटी

भोवमानेस्त प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांचे अध्यक्षतेखाला केंद्रीय मंत्रिमंडळान, संबंदीत मंत्रालयांच्या आदारान, खाशेलेपणान परराष्ट्र मंत्रालय आनी वाणिज्य विभाग, वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालय, तांची निर्यात संबंदीत धोरणां, येवजणी आनी संस्था हांचेवरवीं, सहकारी संस्था आनी संबंदीत आस्थापनां हांणी उत्पादीत केल्ल्या सगल्या उत्पादनां आनी सेवांच्या निर्यातीखातीर 'संपूर्ण सरकार दिश्टीकोण' पाळून, भोवराज्यीय सहकार सोसायट्यो (एमएससीएस) कायदो, 2002 खाला राष्ट्रीय पावंड्यावयली भोवराज्यीय सहकार निर्यात सोसायटी स्थापीत करून तिचो प्रचार करपाक मंजुरी दिल्या.

प्रस्तावीत सोसायटी, निर्यात करपाक आनी ताचो प्रचार करपाक एका सत्री संघटनेच्या रुपांत वावर करून, सहकार क्षेत्रांतल्यान निर्यातीक एक नेट पुरवण करतली. हाका लागून, संवसारीक बाजारांत भारतीय सहकारी संस्थांची निर्यात क्षमताय उकती जावपाक मजत जातली. तशेंच, ही प्रस्तावीत सोसायटी 'संपूर्ण सरकार दिश्टीकोणा' वरवीं विंगड विंगड निर्याती संबंदीत येवजणी आनी भारत सरकारच्या वेगवेगळ्या मंत्रालयांच्या धोरणांचे लाभ एका केंद्रीत पद्दतीन मेळपाक सहकारी संस्थांक मजत करतली. हें सहकार संस्थांच्या सर्वसमावेशक उदरगत मॉडेला वरवीं 'सहकार-से-समृद्धी' चें उद्दिश्ट प्राप्त करपाकूय मजत करतले, जंय सदस्यांक तांच्या वस्तू आनी सेवांच्या निर्याती वरवीं चड बऱ्या मोलाचो लाव आनी सोसायटीन निर्माण केल्ल्या अतिरिक्त दुडवांतल्यान वितरीत केल्ल्या लाभांशाचो दोट्टी फायदो जातलो.

## निर्यातींत सहकारी संस्थांची गरज

- 8.54 लाख नोंदणीकृत सहकारी संस्था आनी 29 कोटींपरस अदीक सदस्य.
- ग्रामीण अर्थीक परिवर्तनांत सहकारी संस्थांचो मुखेल वांटो आसा.
- सगल्या अर्थीक क्षेत्रांत तांच्या तुलनात्मक फायद्याचें तरफबल वापरपाखातीर, सहकारी संस्थांनी संवसारीक पावंड्याचेर चिंतून थळाव्या पावंड्याचेर वावर करपाची गरज आसा.

## निर्यात सोसायटी स्थापीत करपाखातीर उर्बा

- आंतरराष्ट्रीय बाजारांतल्या मागणीचें मुल्यांकन आनी सहकारी संस्थांच्या उत्पादनांची/सेवांची निर्यात क्षमताय हांचो पुराय तरेन वापर.
- देशाच्या निर्यातींत सहकारी संस्थांचो प्रत्यक्ष सहभाग.
- निर्यात करपायोग्य देशी अतिरिक्त वस्तू वा सेवा, खेळटें भांडवल, लॉजिस्टिक्स, तंत्रीक गिन्यान आनी प्रशिक्षण एकठांय करपाखातीर योग्य संस्थागत आदाराची पुरवण.
- सहकारी संस्थांनी उत्पादीत केल्ल्या सगल्या प्रकारच्या वस्तू आनी सेवांची खरेदी, संग्रहण, प्रक्रीयण, विपणन, ब्रँडिंग, लेबलिंग, पॅकेजिंग, प्रमाणन, संशोधन आनी विकास, आदी आनी वेपार.
- सहकारी संस्थांनी उत्पादीत केल्ल्या अतिरिक्त वस्तू आनी सेवांच्या निर्यातींत वाड आनी "मेक इन इंडिया"क प्रोत्साहन दिवप, आनी अशें तरेन आत्मनिर्भर भारत घडोवप.

- हाका लागून सहकार क्षेत्रांत नोकऱ्यांची वाड जातली.

### निर्यात सोसायटीचें वेवस्थापन

- चार मुखेल सहकारी संस्था, इफ्फको, कृभको, नाफेड, जीसीएमएमएफ आनी एनसीडीसी प्रत्येकीं ₹100 कोटींचें योगदान दितल्यो.
- सोसायटीचें अधिकृत भागभांडवल आसतलें ₹2,000 कोटी आनी फारीकणी जाल्लें भागभांडवल आसतलें ₹500 कोटी.
- संचालन क्षेत्र पुराय देशभर आसतले आनी नोंदणीकृत कार्यालय नवी दिल्ली हांगा आसतले.
- सहकारी संस्था – प्राथमीक ते राष्ट्रीय – सदस्यांच्या रुपांत सोसायटींत वांटेकार जावंपाक पात्र आसात.

### निर्यात सोसायटीचीं कार्यां

- देशांतल्या सहकार क्षेत्रांत उपलब्ध अतिरिक्त वस्तू आनी सेवांच्या निर्यातीचेर लक्ष केंद्रीत करप.
- व्यापक बाजारांत शिरकाव करपाखातीर भारतीय सहकार क्षेत्राची तयारी करप.
- संवसारभरांत भारतीय सहकार उत्पादनां/सेवांची मागणी वाडोवप.

### निर्यात सोसायटीचे फायदे

- संवसारीक बाजारांनी भारतीय सहकारी संस्थांची निर्यात क्षमताय उकती करप.
- सहकारी संस्थांच्या सर्वसमावेशक विकास मॉडेला वरवीं 'सहकार-से-समृद्धी'चें उद्दिश्ट प्राप्त करप.
- वस्तू आनी सेवांच्या निर्याती वरवीं चड बऱ्या मोलाचो लाव आनी सोसायटीन निर्माण केल्ल्या अतिरिक्त दुडवांतल्यान वितरीत केल्ल्या लाभांशाचो फायदो.
- सहकारी संस्थांच्या 29 कोटी सदस्यांक ह्या उपक्रमांतल्यान फायदो जातलो.

### सेंद्रीय उत्पादनां खातीर राष्ट्रीय पावंड्यावयली सहकारी सोसायटी

भोवमानेस्त प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांचे अध्यक्षतेखाला केंद्रीय मंत्रिमंडळान, 11 जानेवारी, 2023 वेर एका इतीहासीक निर्णयांत, संबंदीत मंत्रालयांच्या आदारान, खाशेलेपणान वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालय, कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालय, अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्रालय, भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय आनी पूर्वोत्तर क्षेत्र विकास मंत्रालय (एम/डोनर), तांची निर्यात संबंदीत धोरणां, येवजणी आनी संस्था हांचेवरवीं, 'संपूर्ण सरकार दिश्टीकोण' पाळून, भोवराज्यीय सहकार सोसायट्यो (एमएससीएस) कायदो, 2002 खाला, सेंद्रीय उत्पादनां खातीर राष्ट्रीय पावंड्यावयली भोवराष्ट्रीय सहकार निर्यात सोसायटी स्थापीत करून तिचो प्रचार करपाक मंजुरी दिल्या.

प्रधानमंत्र्यांनी सांगलां की, "सहकार-से-समृद्धी" चें सपन साकार करपाखातीर, सहकारी संस्थांच्या बळग्यांचें तरफबल वापरून, यशस्वी आनी उर्बेन आनी उत्साहान भरिल्ल्या वेवसाय आस्थापनांत तांचें परिवर्तन करपाखातीर सगले तरेचे यत्न करपाक जाय. देखून, सगल्या अर्थीक क्षेत्रांत तांच्या तुलनात्मक फायद्याचें तरफबल वापरपाखातीर,




सहकारी संस्थांनी संवसारीक पावंड्याचेर चिंतून थळाव्या पावंड्याचेर वावर करपाची गरज आसा.

हाचे खातीर, सेंद्रीय क्षेत्राकडेन संबंदीत विंगड विंगड कामकाजांचें वेवस्थापन करपाखातीर एका सत्री संघटनेच्या रुपांत वावर करून सहकार क्षेत्रांतल्या सेंद्रीय उत्पादनांक एक नेट पुरवण करपाक, एमएससीएस कायदो (2002) च्या दुसऱ्या अनुसुची खाला, एक राष्ट्रीय पावंड्यावयली सहकारी सोसायटी नोंदणी करपाची गरज जाणवता.

### सेंद्रीय अन्नाची बाजार संभवताय

- संवसारीक सेंद्रीय अन्न बाजार (2020) चो आकार सुमार ₹10 लाख कोटी आसा.
- 27 लाख हेक्टर सेंद्रीय जमीन आशिल्ल्या भारताचो क्रमांक 4थो आसा.
- संवसारांतल्या वट्ट 34 लाख सेंद्रीय उत्पादकांमदले 16 लाख भारतांतले आसात.
- पुराय संवसारीक सेंद्रीय बाजारांत, भारत फकत 2.70% आसा आनी देखून, विस्तार करपाची प्रचंड संभवताय ताचेकडेन आसा.

### सेंद्रीय कित्याक?

- वाडटी भलायकी आनी पर्यावरणीय जाणविकाय हे सेंद्रीय उत्पादनांचे मुखेल उर्बास्रोत आसात.

### भारतांत सेंद्रीय उत्पादनाची संभवताय

- भारताच्या साबार तरांच्या कृशी हवामान परिस्थितींक लागून, तरेकवार सेंद्रीय उत्पादनां तयार करपाची अवाढव्य संभवताय भारताकडेन आसा.
- देशाच्या खूबशा भागांनी, सेंद्रीय शेतकामाचें मेळिल्लें दायज हो एक आलायतो फायदो आसा, खासा पूर्वोत्तर प्रदेशांत (एनईआर), जंय वर्स 2016 त सिक्कीमाक पुराय तरेन सेंद्रीय राज्य घोशीत केल्लें.

### सेंद्रीय बाजारांत सहकारी संस्था कित्याक जाय?

- 8.54 लाख नोंदणीकृत सहकारी संस्था आनी 29 कोटींपरस अदीक सदस्य.

- सेंद्रीय चोंबे आनी तांची पुराय पुरवण सांखळी विकसीत करपाक सहकारी संस्थांचो वापर करपाक येता.

## सेंद्रीय सोसायटी – व्हड सहकारी संस्थांचें तरफबल वापरप

- एक सेंद्रीय सहकारी सोसायटी स्थापीत करपाचो मंत्रालयाचो उपक्रम चलोवपाखातीर, मुखेल सहकारी संस्था जीसीएमएमएफ, नाफेड, एनसीसीएफ, एनडीडीबी आनी एनसीडीसी मुखार आयल्यात.
- ह्या सोसायटीचें अधिकृत भाग भांडवल ₹500 कोटींचें आनी सुरवातीचें फारीकणी केल्लें भाग भांडवल ₹100 कोटींचें आसतलें.
- ताचें संचालन क्षेत्र पुराय देशभर आसतलें आनी नोंदणीकृत कार्यालय एनडीडीबी, आणंद, गुजरात हांगा आसतलें.

## सेंद्रीय सोसायटी रचणूक आनी फायदे

- निर्यातीखातीर संस्थागत आदाराची, म्हळ्यार सेंद्रीय उत्पादनांच्या एकत्रीकरण, प्रमाणन, चांचणी, खरेदी, संग्रहण, प्रक्रीयण, ब्रँडिंग, पॅकेजिंग, लॉजिस्टिक सुविधा, विपणन आनी सेंद्रीय शेतकारांखातीर अर्थीक मजतीची वेवस्था करप.
- निर्देशीत निकश पुराय करपाखातीर, मान्यतायप्राप्त सेंद्रीय चांचणी प्रयोगशाळा आनी प्रमाणन संस्था हांची वळेरी तयार करप.
- सेंद्रीय उत्पादनांच्या पुराय पुरवण सांखळेचें वेवस्थापन.
- ब्रँडचो आनी अमूल आनी हेर संस्थांच्या विपणन नेटवर्काचो वापर, वांगडाच संवसारीक बाजारांत सेंद्रीय उत्पादनांचो विस्तार आनी मागणी वाडोवप.
- सेंद्रीय उत्पादकांक तंत्रीक मार्गदर्शन आनी प्रशिक्षणाची पुरवण आनी तांची क्षमताय विकासीत करप आनी सेंद्रीय उत्पादनांक ओंपिल्ली, बाजाराची म्हायती पुंजावपी प्रणाली विकसीत करून तिची देखभाल करप.
- स्वदेशी आनी संवसारीक बाजारांनी सेंद्रीय उत्पादनांच्या मागणी आनी वापराची संभवताय उकती करप.

## राष्ट्रीय पावंड्यावयली भोवराज्यीय सहकारी बियाणां सोसायटी

भोवमानेस्त प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांचे अध्यक्षतेखाला केंद्रीय मंत्रिमंडळान, भोवराज्यीय सहकार सोसायट्यो (एमएससीएस) कायदो, 2002 खाला, राष्ट्रीय पावंड्यावयली भोवराष्ट्रीय बियाणां सहकार सोसायटी स्थापीत करून तिचो प्रचार करपाच्या एका इतीहासीक निर्णयाक मंजुरी दिल्या. संबंदीत मंत्रालयांच्या आदारान, खाशेलेपणान कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालय, भारतीय कृशी संशोधन मंडळ (आयसीएआर) आनी राष्ट्रीय बियाणां निगम (एनएससी), तांच्यो येवजणी आनी संस्था हांचेवरवीं, 'संपूर्ण सरकार दिश्टीकोण' पाळून, ही सोसायटी देशभरांतल्या विंगड विंगड सहकारी संस्थांमार्फत गुणवत्तापूर्ण बियाणांचें उत्पादन, खरेदी, प्रक्रियण, ब्रँडिंग, लेबलिंग, पाकेजिंग, संग्रहण, विपणन आनी वितरण; धोरणात्मक संशोधन आनी विकास हांचेखातीर; आनी स्वदेशी सैमीक बियाणांची राखण आनी प्रचार हांचेपासत एक प्रणाली विकसीत करपाखातीर एक तेंगशेवयली संस्था ह्या नात्यान वावर करतली.


प्रधानमंत्र्यांनी सांगलां की, "सहकार-से-समृद्धी" चें सपन साकार करपाखातीर, सहकारी संस्थांच्या बळग्यांचें तरफबल वापरून, यशस्वी आनी उर्बेन आनी उत्साहान भरिल्ल्या वेवसाय आस्थापनांत तांचें परिवर्तन करपाखातीर सगले तरेचे यत्न करपाची गरज आसा, कारण देशांतल्या कृशी आनी संबंदीत क्षेत्रांतल्या परिवर्तनाची मोख सहकारी संस्थांकडेन आसा.

## कृशी-विकासा खातीर गुणवत्तापूर्ण बियाणां कित्याक जाय?

- संवसारांतल्या वट्ट भुंयक्षेत्राचो फकत 2.3% वांटो आशिल्ल्या भारताक ताच्या अवाढव्य लोकसंख्येची, जी संवसाराच्या लोकसंख्येची 17.7% आसा, अन्न सुरक्षा सुनिश्चीत करची पडटा. भुंयकसणेखालचें क्षेत्रफळ वाडपाची शक्यता नासल्याचें सत्य मतींत दवरून, गुणवत्तापूर्ण बियाणांचेर भर दिवन, कसणेखालच्या क्षेत्राची प्रती एकक उत्पादकता वाडोवपाचेर नेट दिवंचो पडटलो.
- वट्ट उत्पादनांत गुणवत्तापूर्ण बियाणांचें प्रत्यक्ष योगदान, पिकाचेर निंबून, सुमार 15-20% आसल्याचो अदमास आसा आनी हेर इनपुट्सच्या कार्यक्षम वेवस्थापनान तें फुडें 45% मेरेन वाडोवपाक येता.

## गुणवत्तापूर्ण बियाणांत सहकारी संस्था कित्याक जाय?

- देशांत 8.54 नोंदणीकृत सहकारी संस्था आनी तितूंत 29 कोटींपरस अदीक सदस्य आसात. शेतकार हे बियाणांचे प्राथमीक उत्पादकूय आसात आनी वापरपीय आसात, आनी चडशे भारतीय शेतकार उण्यांत उण्यां एका तरी सहकारी संस्थेचे सदस्य आसल्याकारणान, बियाणां पुनर्स्थापना दर (एसएसआर) आनी अपेक्षीत विविधताय पुनर्स्थापना दर (व्हीआरआर) मेळोवपाखातीर ह्या सहकारी संस्थांकूय आसपावीत करपाक येता.
- अशे तरेन, सहकारी संस्थांमदीं शेतकारांचें व्हड संख्येन आशिल्ल्या सदस्यत्वाचें बळगें उत्पादन, अद्ययावत चांचणी सुविधेचो विस्तार आनी बियाणां विविधताय चांचण्यो हांच्या हेतापासत वापरपाक येता. पिकांतलें अंतर उणें करपाक हें कारणीभूत थारपाक शकता.



## बियाणां सोसायटी स्थापीत करपाक उर्बा

- उद्दिश्ट आसा, विंगड विंगड वावर – शक्य तितल्या विपणन मार्गांतल्यान, तिच्या स्वताच्या नांवाखाला गुणवत्तापूर्ण बियाणांचें उत्पादन, खरेदी, ब्रँडिंग, लेबलिंग, पॅकेजिंग, संग्रहण, विपणन आनी वितरण – करपाखातीर, भोव-राज्यीय सहकारी सोसायटी कायदो, 2002 खाला राष्ट्रीय भोव-राज्यीय सहकारी बियाणां सोसायटी स्थापीत करून तिचो प्रचार करप.

## बियाणां सोसायटीचें वेवस्थापन

- तीन मुखेल राष्ट्रीय सहकारी संस्था, म्हळ्यार इंडियन फार्मर्स फर्टिलायझर को-ऑपरेटिव्ह लिमिटेड (इफ्फको), कृशक भारती को-ऑपरेटिव्ह लिमिटेड (कृभको) (मुखेल प्रवर्तक) आनी नॅशनल ॲग्रीकल्चरल को-ऑपरेटिव्ह मार्केटिंग फेडरेशन ऑफ इंडिया लिमिटेड (नाफेड), दोन वैधानीक संस्थांवांगडा, म्हळ्यार नॅशनल डेअरी डेव्हलपमेंट बोर्ड (एनडीडीबी) आनी नॅशनल को-ऑपरेटिव्ह डेव्हलपमेंट कॉर्पोरेशन (एनसीडीसी) हांणी प्रत्येकीं ₹50 कोटींचे योगदान दिवन बियाणां सहकारी सोसायटीचे प्रवर्तक सदस्य जावपाचें थारायला.
- ह्या सोसायटीचें अधिकृत भाग भांडवल ₹500 कोटी आसतले आनी ₹250 कोटींच्या, सुरवातीक फारीकणी केल्ल्या भाग भांडवलान स्थापीत जातले.
- ती भाग भांडवल, प्रवेश आनी हेर शुल्क, रिणां, रोख क्रेडीट, वाणिज्य दस्तावेज, बँकांचे/अर्थसाहाय्य संस्थांचे अधिकर्श, केंद्रीय आनी राज्य सरकारांकडल्यान मजत (ग्रांट) आनी अनुदान, सदस्यांकडल्यान आनी भारतीय आनी विदेशी संस्थांकडल्यान दान/योगदान, नफो, हांचे वरवीं निधी उत्पन्न करतली.
- तशेंच, आयसीएआर हांणी प्रस्तावीत सोसायटीक, तिचो वावर सुरू करपाक, प्रजनक बियाणां आनी प्रौद्योगीक आदार पुरवण करपाचें मान्य केलां.


## सोसायटीची कार्यां आनी व्याप्ती

- प्रस्तावीत सोसायटी प्राथमीक कृशी सहकारी सोसायट्यो (पीएसीएस), भोव-राज्यीय सहकारी सोसायट्यो (एमएससीएस) आनी जिलो, राज्य आनी राष्ट्रीय पावंड्यावयले महासंघ हांचेवरवीं वावर करतली. एसआरआर, व्हीआरआर वाडोवपाखातीर ती गुणवत्तापूर्ण बियाणांची लागवड आनी बियाणां विविधताय चांचण्यो, एकमात्र ब्रँड नांव आशिल्ल्या प्रमाणीत बियाणांचें उत्पादन आनी वितरण हातूंत शेतकारांची भुमिका सुनिश्चीत करून, सहकारी बांदावळीची सगलीं स्वरुपां आनी हेर सगले मार्ग हांचो आसपाव करतली.
- तिचे कार्यावळीचो वाठार पुराय देशभर आसतलो. सुरवातीक, नोंदणीकृत कार्यालय नवी दिल्लींत आसतले.
- बियाणांच्या वेवसायांत रूची आशिल्ल्यो, प्राथमीक ते राष्ट्रीय सगल्या पावंड्यावयल्यो सहकारी संस्था सदस्यांच्या नात्यान प्रस्तावीत सोसायटींत सामील जावपाक पात्र आसतल्यो.
- सोसायटीचे उपनियम आनी वेळावेळार सुदारीत एमएससीएस कायदो आनी नेम 2002 हांचेप्रमाण, मुखेल कार्यकारी अधिकारी हांचे मजतीन, संचालक मंडळ सोसायटीचे नियमन करतले. ती तिच्या सदस्यांकडेन उत्तरदायी आसतली.
- 'संपूर्ण सरकार दिश्टीकोणा' वरवीं भारत सरकारच्या वेगवेगळ्या मंत्रालयांच्या विंगड विंगड येवजणी आनी धोरणांचें तरफबल वापरून, एका केंद्रीत रितीन, बियाणांच्या तिनूय पिळग्यांचें - म्हळ्यार प्रजनक, बुन्यादी आनी पीएसीएस वरवीं प्रमाणीत - उत्पादन, कसवटणी, प्रक्रीयण, संग्रहण, ब्रँडिंग, लेबलिंग आनी पॅकेजिंग हांचेर लक्ष केंद्रीत करून सोसायटी तिचो वावर करतली.

## सोसायटीचे फायदे

- बियाणां सहकारी सोसायटी सुनिश्चीत करतली की, 29 कोटी ल्हान आनी कडसायिल्ल्या जमीनधारक सहकारी शेतकारांक गुणवत्तापूर्ण बियाणांचें उत्पादन, वितरण, विपणन आनी पारंपरीक आनी सैमीक बियाणांची जतनाय हांचे फायदे मेळटले. बियाणां कसवटणी सुविधा आनी विविधताय चांचण्यो हांच्या अद्ययावतीकरणांतल्यान सोसायटी हें उद्दिश्ट प्राप्त करतली.
- गुणवत्तापूर्ण बियाणांचें उत्पादन, खरेदी, प्रक्रीयण, पॅकेजिंग, विपणन, आदींतल्यान मेळिल्ले तिचे सगले फायदे, सोसायटीच्या उपनेमाप्रमाण एक भाग राखीव दवरून सोसायटी सहभागी शेतकार सदस्यांक हस्तांतरीत करतली.
- गुणवत्तापूर्ण बियाणांचें उत्पादन, प्रक्रीयण, संग्रहण, विपणन आनी वितरण हांच्यो सहकारी सोसायट्यांच्यो क्षमतायो वाडोवन सोसायटी त्यावरवीं कृशिविशयक उत्पादकता वाडयतली, ज्याचो परिणाम देशाच्या फाटीचो कणो आशिल्ल्या ग्रामीण अर्थवेवस्थेच्या सर्वसमावेशक उदरगतींत जातलो.
- बियाणां पुनर्स्थापना दर (एसएसआर) आनी विविधताय पुनर्स्थापना दर (व्हीआरआर) वाडोवपाक मजत करून, सहकारी सोसायट्यांच्या सगल्या पावंड्यावयल्या नेटवर्काचो वापर करून, सोसायटी गुणवत्तापूर्ण बियाणांची लागवड आनि बियाणां विविधताय कसवटण्यो, एकमात्र ब्रँड नांव आशिल्ल्या प्रमाणीत बियाणांचें उत्पादन आनी वितरण हातूंत शेतकारांची भुमिका सुनिश्चित करतली. गुणवत्तापूर्ण बियाणांची उपलब्धताय कृशिविशयक उत्पादकता वाडोवपांत, अन्न सुरक्षेक घटाय हाडपाक आनी तशेंच शेतकारांची येणावळ वाडोवपांत मजत करतली.
- नॅशनल को-ऑपरेटिव्ह युनियन ऑफ इंडिया (एनसीयूआय) न उजवाडाक हाडिल्ल्या डेटाप्रमाण, थेट रोजगारांतली सुमार 13.30% निर्माणी सहकार क्षेत्र करता. ह्या प्रस्तावीत सोसायटी वरवीं गुणवत्तापूर्ण बियाणांचें उत्पादन, देशांतलें कृशी उत्पादन वाडोवन त्या वरवीं कृशी आनी सहकार क्षेत्रांत चड रोजगार निर्माण करतलें. गुणवत्तापूर्ण बियाणांचें प्रक्रीयण, विपणन आनी वितरण हेवूय ह्या क्षेत्रांत अतिरिकक्त रोजगार निर्मणी करून, अशे तरेन ग्रामीण अर्थवेवस्थेक नेट दितले, "मेक इन इंडिया"क उर्बा दिवन आत्मनिर्भर भारताचे दिशेन व्हरतले.
- तशेंच, हें सहकारी सोसायट्यांच्या सर्वसमावेशक विकास मॉडेला वरवीं 'सहकार-से-समृद्धी' चें उद्दिश्ट प्राप्त करपाकूय मजत करतले, जंय सदस्यांक गुणवत्तापूर्ण बियाणांच्या उत्पादनाक लागून चड बरो भाव, चड पिकावळीच्या जातीची (एचवायव्ही) बियाणांच्या वापरान पिकांचें अदीक उत्पादन हांचो दोट्टी लाव जातलो आनी तशेंच सोसायटीन निर्माण केल्ल्या अतिरिक्त दुडवांतल्यान वितरीत केल्ल्या लाभांशाचोय फायदो जातलो.
- सहकारी सोसायट्यांचे 29 कोटी सदस्य, जे चडशे ग्रामीण क्षेत्रांतल्या शेतकार समुदायांतले, कडसायिल्ल्या आनी उण्यां येणावळीच्या पंगडांतले आसात, तांका फायदो जातलो.

## इतिहासीक एमओयू चेर हस्ताक्षर – सीएससी नी प्रस्तुत केल्ल्यो 300 परस अदीक ई-सेवा पीएसी वितरीत करतल्यो



भोवमानेस्त प्रधानमंत्री हांचे 'सहकार-से-समृद्धी' चें सपन पूर्ण करपाचे दिशेन एक इतिहासीक निर्णय घेवन, केंद्रीय घर आनी सहकार मंत्री, श्री. अमित शाह आनी केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनीक्स आनी म्हायती तंत्रगिन्यान मंत्री, श्री. अश्विनी वैशणव हांचे उपस्थितींत, 2 फेब्रुवारी, 2023 वेर एक समजिकायेचें जाणपत्र (एमओयू) हस्ताक्षरीत जालें, सामान्य सेवा केंद्रां (सीएससी) नी प्रस्तुत केल्ल्यो सेवा पुरवण करपाक प्राथमीक कृशीविशयक क्रेडीट सोसायट्यो (पीएसी) सक्षमीत करपाखातीर. हो एमओयू सहकार मंत्रालय, इलॅक्ट्रॉनीक्स आनी म्हायती तंत्रगिन्यान मंत्रालय, नाबार्ड आनी सीएससी ई-गव्हर्नन्स सर्व्हिसेस इंडिया लिमिटेड हांचेमदीं, नवी दिल्लींत हस्ताक्षरीत जालो. सहकार राज्यमंत्री श्री. बी. एल. वर्मा, सहकार मंत्रालय आनी इलॅक्ट्रॉनीक्स आनी म्हायती तंत्रगिन्यान मंत्रालयांचे सचीव, सहकार मंत्रालय, नाबार्ड आनी एनसीडीसी हांचे वरिश्ठ अधिकारी ह्या प्रसंगाचेर उपस्थीत आशिल्ले.

सहकार मंत्र्यांनी तांच्या भाशणांत सांगलें की, पीएसी ह्यो सहकारी संस्थांचो प्राण आसात आनी सुमार 20 सेवांचे पुरवणकर्तें ह्या नात्यान तांका भोव-उद्देशी केल्यान ग्रामीण वाठारांत रोजगाराच्यो संदी वाडटल्यो. तांणी सांगलें की ग्रामीण आनी कृशीच्या उदरगतींत पीएसीएस ची भुमिका आनी योगदान म्हत्त्वपूर्ण आसा. ही कबलात सगल्यांखातीर जैताची परिस्थिती आसल्याचें सांगून तांणी म्हळे की, सहकारी संस्था आनी शेतकार दोगांकूय घटाय हाडपाखातीर हें एक क्रांतीकारक पावल थारतलें आनी सीएससी ची संकल्पना सोंपेपणान देशाच्या ल्हानांत ल्हान एककाकडेन पावोवपाक मजत करतलें. ह्या एमओयू उपरांत आतां पीएसीएस ह्यो सीएससी सारक्यो वावर करपाक सक्षम जातल्यो, हाचे वांगडा, 300 परस अदीक सेवा गांवांतल्या लोकांक उपलब्ध जातल्यो, ज्यातूंत पीएसीएस चे 13 कोटी शेतकार वांगडी आसतले. हें पीएसीएस च्या वेवसायाचो वावर वाडयतले आनी तांका स्वयंपूर्ण अर्थीक आस्थापनां जावंपाक मजत करतले; आनी ह्या उपक्रमासयत, पीएसीएस अतां सीएससी येवजणीच्या डिजिटल सेवा पोर्टलाचेर वळेरी आशिल्ल्यो सगल्यो सेवा नागरीकांक पुरवण करपाक सक्षम जातल्यो. हातूंत बँकिंग, विमो, आधार नांवनोंदणी/अद्ययावतीकरण, कायदेशीर सेवा, शेतीच्या उपकरणांसारकीं कृशी-साधनां, पॅन कार्ड, आयआरसीटीसी रेल्वे, बस आनी विमान तिकेटांसंबंदी सेवा, आदींचो आसपाव आसा. तशेंच, केंद्रीय सहकार मंत्री हांणी घोशीत केलें की पीएसीएस संगणकीकरणाच्या केंद्र-पुरस्कृत येवजणीखाला विकसीत जायत आशिल्लें राष्ट्रीय सॉफ्टवॅर, सीएससी म्हूण वावर करपाखातीर पीएसीएस खातीरूय वापरतले, जी एक व्हड सफलता आसतली.

स्रोत: पीआयबी

## एनसीयूआय त एनसीपी पॅनल बसका: नवो एनसीपी मसुदो सहकारी भरती मंडळ आनी सहकारी त्रिबुनाल प्रस्तावीत करूंक शकता




24 जानेवारी 2023 वेर, आदले केंद्रीय मंत्री श्री. सुरेश प्रभू हांचे अध्यक्षतेखाला, एनसीपी पॅनलान नव्या राष्ट्रीय सहकार धोरणा (एनसीपी) दस्तावेजाचो मसुदो तयार करपाखातीर, ताची राष्ट्रीय पावंड्यावयल्या समितीची 6वी बसका, एनसीयूआय मुख्यालयांत आयोजीत केली. ह्या बसकेंतल्यो कांय नाविन्यपूर्ण सुचोवण्यो आशिल्ल्यो, राष्ट्रीय सहकारी लेखापरीक्षण आनी लेखा मंडळ वा राष्ट्रीय सहकारी त्रिबुनाल, आनी राष्ट्रीय सहकारी भरती मंडळ हांची स्थापणूक. ह्यो सगल्यो क्रांतीकारक कल्पना आनी पॅनल सदस्यांच्यो सुचोवण्यो हांचो आसपाव निमाण्या एनसीपी आराखड्यांत जातलो.

एनसीयूआय अध्यक्ष श्री. दिलीप संघानी, कृभको एमडी श्री. राजन चौधरी, आरबीआय केंद्रीय मंडळ संचालक श्री. सतीश मराठे, नॅफकब अध्यक्ष श्री. ज्योतींद्र मेहता, वामनीकॉम संचालक डॉ. हेमा यादव, एनएफसीएसएफ एमडी श्री. प्रकाश नाईकनवरे, नाबार्ड अध्यक्ष श्री. शाजी केव्ही, उदयपूर दूद उत्पादन सहकारी संघाची अध्यक्ष श्रीमती गीता पटेल आनी हेर पॅनल सदस्य बसकेंत उपस्थीत आशिल्ले.

तशेंच, नवो एनसीपी मसुदो भारतीय राष्ट्रीय सहकारी बँकेची स्थापणूक करपाचो प्रस्ताव दिता, जिची भुमिका नाबार्ड सारकीच आसतली. मसुदो धोरण दस्तावेजांत प्रस्तावीत हेर मुखेल संस्थांमदीं उदरगत अर्थीक संस्था, राष्ट्रीय सहकारी विद्यापीठ, सेंटर फॉर एक्सलन्स, राष्ट्रीय सहकारी लेखापरीक्षण आनी लेखा मंडळ, राष्ट्रीय निर्यात भोव-राज्यीय सहकारी सोसायटी आनी हेर संस्थांचो आसपाव आसतलो. नव्या एनसीपी 2022 च्या मसुद्यांत फुडल्या 25 वर्सांचो, म्हळ्यार वर्स 2024-2047 मेरेनचो रोडमॅप आसतलो. 2.5 लाख कार्यरत पीएसींक संगणकीकृत करून तांका एका समान राष्ट्रीय माचयेचेर हाडपाची आनी राष्ट्रीय सहकारी डेटाबेजाचें सगल्या हितसंबंदीं वांगडा एकत्रीकरण करपाची रणनीती आसा. वर्स 2047 मेरेन, 6 लाख नव्यो पीएसी, डेअरी आनी नुस्तें सहकारी संस्था स्थापीत करपाची, एनसीपी मसुद्याची येवजण आसा. तेभायर, 50 कोटी मंडळ सदस्य आनी हेरांक प्रशिक्षण दिवपाविशींय तो उलयता.

स्रोत: Indiancooperative.com

## गांधीनगर हांगा बी20 इंडिया इन्सेप्शन बसका

हालींच गांधीनगर, गुजरात हांगा 3 दिसांची बी20 इंडिया इन्सेप्शन बसका जाली. डॉ. चंद्रपाल सिंह यादव (अध्यक्ष, आयसीए-एपी आनी अध्यक्ष, कृभको), श्री. दिलीप संघानी (अध्यक्ष एनसीयूआय आनी अध्यक्ष इफ्फको), आनी श्रीमती सावित्री सिंह (उप मुखेल कार्यकारी, एनसीयूआय) हांणी ह्या बसकेंत वांटो घेतलो. सध्या, जी20 चें अध्यक्षपद भारताकडेन आसा. जी20 हो मुखेल विकसीत आनी विकसनशील




संवसारीक देशांचो एक पंगड. सप्टेंबर 2023 त, भारत 18व्या जी20 शिखर परिशदेचें येजमानपद धारण करपाचो आसा, ज्या पयलीं, जी20च्या मुखेल पंगडांच्यो खूबश्यो बसका आयोजीत जावपाच्यो आसा, ज्यातूंत बी20चोय आसपाव आसा.

वेवसाय 20 (बी20) हो ह्या संघटनेच्या अधिकृत पंगडांतलो एक सगळ्यांत अदीक म्हत्त्वाचो पंगड. हातूंत कंपन्यो, वेपारी संघटना आनी भोवपक्षीय हांचो आसपाव आसा. भारताच्या जी20 अध्यक्षपदाच्या कारकीर्दींत बी20चें नेतृत्व आनी येजमानपद करपाक, भारत सरकारान कॉन्फडरेशन ऑफ इंडियन इंडस्ट्री (सीआयआय) हांची अधिकृत नेमणूक केल्या. बी20 इंडिया हे 7 कार्यदळां आनी 2 कार्यमंडळां हांचेमार्फत वावर करतले.

जी20 पंगडांत आर्जेंटिना, ऑस्ट्रेलिया, ब्राझील, कॅनडा, चीन, फ्रांस, जर्मनी, भारत, इंडोनेशिया, इटली, जपान, रिपब्लिक ऑफ कोरिया, मेक्सीको, रशिया, सौदी अरेबिया, दक्षीण आफ्रीका, टर्की, युनायटेड किंगडम, युनायटेड स्टेट्स आनी युरोपियन युनियन हांचो आसपाव आसा.

## सी-20 कार्य पंगडाच्या वेबिनारांत एनसीयूआय वांटेकार




श्रीमती सावित्री सिंह, उप सीई, एनसीयूआय, हांणी 22 जानेवारी 2023 वेर सी-20 कार्य पंगडान आयोजीत केल्ल्या एका वेबिनारांत वांटो घेतलो. वेबिनाराचो मुखेल विशय आशिल्लो "लिंग आनी नागरी समाजाचेर केंद्रीत तंत्रगिन्यान आनी धोरणां". एनसीयूआय च्या उप सीई हांणी भारताच्या सहकारी चळवळीची वळख करून दिली आनी भारतीय सहकारी वेवसायांच्या सफलतायेविशीं विस्कटावन सांगलें, तशेंच 30 कोटी सहकारी सदस्यांच्या समाजीक-अर्थीक उदरगतींत तांच्या लक्षणीय योगदानाविशीं सांगलें. सी20 क मुखेल धोरण संदेश दितना तिणें शिफारस केली की, एसडीजी मेळोवपांत एक मुखेल घटक ह्या रुपांत सहकारी संस्थांच्या योगदानाक मान्यताय मेळची आनी विंगड विंगड जी20 कार्य पंगडांनी योग्य सुवात मेळची, तशेंच संबंदीत अहवाल आनी शिफारशींत तांचो उल्लेख जावंचो. सिव्हिल 20 (सी20) हो जी20 चो एक अधिकृत कार्यावळ पंगड आसा. नागरी समाज संघटनां (सीएसओ) खातीर जी20ची माची ह्या नात्यान, सी20 अ-सरकारी आनी अ-व्यावसायीक उतरां जी20 मुखेलीं मेरेन पावयता. सध्या, जी20 चें अध्यक्षपद भारताकडेन आसा.



## एनसीयूआय न निटकॉन लि. हांचेवांगडा एक एमओयू हस्ताक्षरीत केलो: सहकारी उद्देजगतायेक प्रोत्साहन दिवपी एक लक्षांत दवरपासारकें पावल

सहकार उद्देजकतायेक प्रोत्साहन दिवपाच्या हेतान, नामनेच्या साधनसामुग्री संघटनांवांगडा संबंद जोडपाचो तांचो यत्न फुडें व्हरतना, 2 फेब्रुवारी 2023 वेर, एनसीयूआय अध्यक्ष श्री. दिलीप संघानी, डॉ. सुधीर महाजन, सीई, एनसीयूआय आनी श्री. सतविंदर सिंह, एमडी, निटकॉन लि. हांचे हजेरींत, एनसीयूआय न निटकॉन लि. हांचेवांगडा एका एमओयू चेर हस्ताक्षर केलें. ह्या प्रतिश्ठीत पालवान, एसएचजी आनी सहकारी सोसायट्यांच्या उत्पादनांचो प्रचार करपाक, विपणनाखातीर पालव विकसीत करपाक, उद्देजकताय विकास प्रशिक्षण कार्यावळींनी तांच्या इन्क्युबेशन सेंटराक घटाह हाडपाक, आनी नोंदींचें डिजिटायझेशन, सॉफ्टवॅर विकास, विंगड विंगड प्रकल्पां खातीर आयटी हार्डवॅर पुरवण, आदींच्या रुपांत एनसीयूआय क वेवसायीक आदार मेळटलो. 1984 त स्थापीत केल्ली निटकॉन लिमिटेड ही उद्देगीक, शिक्षणीक आनी भलायकी सेवा क्षेत्रांत आयटी आनी सल्लागार सेवा, कुशळटाय उदरगत, प्रशिक्षण आनी क्षमताय विकास हांचेपासत वावर करपी एक सरकारी संघटना आसा.

